# म्हायती खात्याची राज्य पांवड्याचेर फोटो सर्त

ता. 18 ऑगस्ट 2023

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय राज्य फोटो सर्त आनी प्रदर्शन येवजण – 2014 खाला प्रवेशिकां मागयल्यात. फोटो सर्त "गोंयची पारंपरीक पाककला" आनी "गोंयांतली ग्रामीण जीण" ह्या विशयांचेर दोन विभागांत घेवपात येतली.

प्रत्येक प्रवेशिकेच्या फाटल्या वटेन फोटोग्राफराचे नाव, राष्ट्रीयता, पोस्टाचो नामो, मोबायल नंबर, टेलिफोन नंबर, ई-मेल नामो ब्लॉक लॅटर्सांनी बरोवपाक जाय. तशेंच फोटो खातीर वापरिल्ल्या कॅमेराची तांत्रिक म्हायती प्रवेशिके वांगडा जोडपाक जाय. प्रवेशिकेखातीर मोबायलार काडिल्ली प्रतिमा विचारात घेवपाक येवची ना. प्रवेशिके वांगडा फोटोची थोडेभितर म्हायती आनी फोटोग्राफराचो वैयक्तिक तपशील चडांत चड 100 उतरांचो जोडपाक जाय. प्रवेशिके वांगडा निवास दाखलो जोडपाक जाय. प्रवेशिकेचे फोटो मुळ स्वरूपाचे आनी ते स्वता काडिल्ल्याचे प्रमाणपत्र जोडपाक जाय.

प्रवेशिकाधारकांन हाय रिझोल्यूशनच्या फोटवासयत सॉफ्ट कॉपी धाडपाक जाय. प्रवेशिकाधारकांन 12 x 8 आकाराचो कलर प्रिन्ट सादर करपाक जाय आनी प्रत्येक वर्गात चडांत चड 4 वेगवेगळे फोटो धाडपाक शकता. ह्या सर्तींत वाटो घेवपा खातीर शुल्क ना, पिरायेची मर्यादा ना आनी पात्रतायेचीय आवश्यकता ना. ड्रोणावरवीं काडिल्ले फोटो स्विकारचे नात.

प्रत्येक वर्गात पयले इनाम रोख 20,000/- रूपया तशेंच ट्रॉफी आनी प्रमाणपत्र, दुसरे इनाम रोख 16,000/- रूपया तशेंच ट्रॉफी आनी प्रमाणपत्र तिसरे इनाम रोख 12,000/- रूपया तशेंच ट्रॉफी आनी प्रमाणपत्र तशेंच प्रत्येक वर्गात 2,000/- रूपयांची पाच उमेद वाडोवपी इनामां आनी प्रमाणपत्र दितले.

प्रवेशिकांचे फोटो हे म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याची मालमत्ता आसतली आनी तांचो वापर प्रदर्शना खातीर आनी ह्या खात्याच्या आनी गोंय सरकाराच्या हेर प्रसिध्दी खातीर करतले.

प्रवेशिका सादर करपाचो निमाणो दीस 13 ऑक्टोबर 2023 सांजेची 5.00 वरांमेरेन आसा. ता. 16 नोव्हेंबर 2023 दिसा राष्ट्रीय पत्रकारिता दिसा फोटो प्रदर्शन आयोजीत करपात येतले आनी कार्यक्रमात सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयतले.

प्रवेशिकांचेर "गोंय राज्य फोटो सर्त आनी प्रदर्शनाखातीर प्रवेशिका" असो स्पश्ट उल्लेख करचो आनी संचालक, म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते, तिसरो माळो, उद्‌देग भवन, पणजी गोंय हांच्या नाम्यार सादर करच्यो. निमाण्या तारखे उपरांत आयिल्ल्या प्रवेशिकांचो विचार जावचो ना.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/652

---

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.